# इफ्फीच्या काळात पणजी बाजार ते डी.बी.बी.मार्ग मेरेनचो रस्तो येरादारीक बंद

ता. 29 ऑक्टोबर 2018
7 कार्तिक 1940

उत्तर गोंय जिल्होधिका-यान 49 व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव काळात म्हळयार ता. 20 ते 28 नोव्हेंबर 2018 मेरेन आयनॉक्स प्रकल्पाकडलो पणजी बाजार ते डी.बी.बी.मार्ग मेरेनचो रस्तो सगळे तरेच्या वाहनांच्या येरादारीखातीर बंद दवरपाचो आदेश दिला. जिल्होधिका-यान संबंदीत यंत्रणाक रस्तो योग्य तरेन बंद करपाचो तशेच रस्तो बंद करपाक वापरिल्ले सामान चित्रपट महोत्सव सोपले उपरांत रोकडयारोकडे काडून रस्तो येरादारी उकतो करपाचो, वाहन चालकांक सूचोवणी दिवपी तकटे लावपाचो, येरादारी मार्शल नेमपाचो तशेंच रस्तो येरादारीक बंद आशिल्ल्याची म्हायती दिवपाचो सूचोवणी बोर्ड लावपाचोय आदेश दिला.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2018/1710